**मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं गोंय मुक्ती वयल्या लोगोचे अनावरण**

ता. 17 डिसेंबर 2020

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज 60 व्या गोंय मुक्ती वर्साच्या लोगोचे अनावरण केले. 19 डिसेंबर 2020 ते 19 डिसेंबर 2021 मेरेन गोंय मुक्तीचे 60वे वर्स मनोवपात येतले.

म्हायती आनी प्रसिध्दी सचिव श्री. संजय कुमार, म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे संचालक श्री. सुधीर केरकर ह्या वेळार हजर आशिल्ले.

म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान 60 व्या गोंय मुक्ती वर्साखातीर लोगोची निवड करपाखातीर सर्त आयोजीत केल्ली. ह्या सर्तीखातीर 164 प्रवेशीकां आयिल्ल्यो. निवड समितीन श्री. भावेश वेलिंगकर, गोठण-वेलिंग म्हार्दोळ हांच्या लोगोची निवड केल्ली आसून जैतवंताक 10 हजारांचे रोख इनाम दितले. निवड जाल्लो लोगो सरकारा वतीन वर्सभर करपात येवपी पत्रवेव्हाराचेर प्रदर्शीत करपात येतलो. निवड समितीत म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे जोड संचालक, कला आनी संस्कृती संचालनालयाचे उपसंचालक, म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे म्हायती अधिकारी आनी प्रो. श्री. महेंद्र चोडणकर हांचो आसपाव आशिल्लो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/735

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji